गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>मनशाच्या जीणेखातीर पर्यावरणाचो समतोल राखपाची गरज आसा- मुख्यमंत्री</u>**

ता. 5 ऑक्टोबर 2019

मनशाच्या जीणेखातीर पर्यावरणाचो सांबाळ करपाची गरज आसा. वन्यजीव आनी रानांचो सांबाळ करून पर्यावरणाचो समतोल राखपाची गरज आसा आनी त्या खातीर आमी पर्यावरणाचो इबाड थांबोवपाक प्लास्टिकाचो वापर टाळपाक जाय, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज साखळेच्या रविंद्र भवनात रान खात्यान आयोजीत “रानजीव सप्तक 2019” कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान भुरग्यांक वन्यजीव, झाडां आनी रानांतल्या हेर वनस्पतींची माहिती आनी म्हत्व पटोवन दिवपा खातीर शाळांनी आपल्या विद्यार्थ्यां खातीर अभयारण्यांनी सहलींचे आयोजन करपाक सांगले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान बावटो दाखोवन रान खात्यान आयोजीत केल्ल्या वन्यजीव संरक्षण जागृती फेरीची सुरवात केली तशेंच सलीम अली पक्षी अभयारण्य आनी बोंडला वन्यजीव अभयारण्यावयल्या माहिती पुस्तीकेचे विमोचन केले.

वन्यजीव सप्तकाच्या काळात रान खात्यान पोस्टर रंगोवप, निबंध लेखन, प्रस्नोत्तरी सर्त अशां तरेकवार कार्यक्रमांचे आयोजन केल्ले.

कार्यक्रमाक मोले ग्रामपंचायतीचे सरपंच श्री. मनिष लांबोर, कुळेच्यो सरपंच श्रीमती स्नेहलता नाईक आनी रान खात्याचे अधिकारी हजर आशिल्ले.

सुरवातीक प्रधान मुख्य वनपाल श्री. सुभाष चंद्रा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जाॅआ/ विगां/ 2019/667